राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज राष्ट्रपती भवनातल्या सांस्कृतीक केंद्रांत 2024 वर्साचे प्रतिश्ठीत राष्ट्रीय भूविज्ञान पुरस्कार भेटयले. भूविज्ञान मळावेलों हो सगळ्यांत पोरनो आनी प्रतिश्ठीत पुरस्कार जो ह्या मळार तज्ञांच्या वचनबद्धतेचो आनी उत्कृश्टतायेचो भोवमान करपा खातीर दितात. (बयतेस28 सेक )

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी "मुख्यमंत्री महिला रोजगर येवजण चालिक लायताना सांगले(बयतेस28 सेक ). स्वरोजगार आनी उपजीविकेच्या संदावरवीं बायलां सशक्तीकरणाक चालना दिवप हो हे येवजणेचो हेत आसा.

केंद्रीय जहाज मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी वर्स 2047 मेरेन विकसीत भारताचें सपन साकार करपाखातीर सरकार सुदारणा, कामगिरी आनी परिवर्तनाच्या दिकेन काम करता अशे सांगलें. क्षेत्रांत दर्या वेल्या मळर तारवटी आनी कर्मचाऱ्यांची पुरवण करपी पयल्या तीन देशांत भारताचो आस्पाव आसा , तशेच जहाज येरादारीच्या मुळाव्या साधनसुविधां मर्दीं केल्ल्या व्हड सुदारणां कारणान अंतर्गत वेपारांत खूब वाड जाल्या अशें तांणी मुखार सांगलें.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज अस्तंत बंगालांतल्या  लोकांनी सुरक्षीत, शांती आनी समृध्द राज्य उबारपाचे दिकेन ‘परिवर्तनाखातीर ’ वावुरचें असो उलो मारलो. ताणी आयज कोलकाताच्या दुर्गा पुजा पंडालाक भेट दिली, तशेंच व्हड समाजसुदारक पंडित ईश्वरचंद्र विद्यासागर हांच्या जयंतीनिमतान  तांका आर्गा ओपली.

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज नवी दिल्लींत रशियेचे उपप्रधानमंत्री दिमित्री पात्रुशेव वांगडा बसका घेतली. हे बसकेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी शेती आनी अन्न सुरक्षा मळार परस्पर सहकार्याचेर चर्चा केली. मजगती केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी  प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी (पीएम-किसान) येवजणेचो 21वो हप्तो जारी करताना म्हला (बयतेस28 सेक ).

भारतीय वायुदळन आयज चंडीगढांत स दशकां वयर समर्पित देशसेवे उपरांत मिग-21 झुजारी विमानांक निरोप दिलो . ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरो म्हूण संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगले (बयतेस23 सेक

नवी दिल्लींत जाल्ल्या वर्ल्ड फूड इंडिया शिखर सभेंत एक लाख कोटी रुपयां परस चड मोलाच्यो साम्जीकायेच्यो कबलाती जाल्यात अशी म्हायती  अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान हांणी दिली. हाका लागून देशभरांत णव लाख रोजगाराची संद निर्माण जातली आनी प्रक्रिया क्षेत्रांतलीं बरयो  पद्दतीं प्रदर्शित करपाखातीर ह्या शिखर सभेंत एक माची मेळटा अशे तानी म्हणला .

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी. श्री नड्डा हांणी आयज नवी दिल्लींत एफएसएसएआयच्या ग्लोबल फूड रेग्युलेटर्स समिट 2025 च्या तिसरे आवृत्तीचें उक्तावण करतना सांगलें. (बयतेस२३ सेक ).

केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज देशभरांतल्या वट 98 हजार सुवातींनी बीएसएनएल 4जी प्रणाली बसवोपाची घोशणा केल्या . फाल्यां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ताचें उक्तावण करतले. उपरांत ही प्रणाली फाय-जींत रुपांतरीत करतले अशेंय तांणी सांगलें. ही प्रणाली  देशाच्या दरेका भागांत स्थापन जातली. तशेंच डिजिटल इडिया फंडा वरवीं देशांत शंबर टक्के 4जी सॅचुरेशन नेटवर्काचें उक्तावण ताणी केलें.

भारतीय हवामान खात्यान दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, ओडिशा, आनी तेलंगणाच्या कांय वाठारांनी आयज घोग्यांनी पावसाखातीरचो  ओरंज अलेर्त जारी केल्या. तशेच फाल्यां मेरेन छत्तीसगढ, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकलात कांय सुवातिनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आशिया कप टी-20 सर्तींत आयज सांजें 8 वरांचेर दुबयत सुपर 4 खेळात भारत आनी श्रीलंकें आड खेळटलो. भारत पयलींच फायनलींत पात्र थारला, जाल्यार श्रीलंका सर्तींतल्यान भायर पडल्या. आयतारा फायनलींत भारत आनी पाकिस्तान मदीं खेळ जातलो.